# मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं गोंय घरनिर्माण मंडळाच्या बाजार संकुलाचें उक्तावण

ता. 16 ऑगस्ट 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरी हांगा गोंय घरनिर्माण मंडळाच्या बाजार संकुलाचे आनी जॉगर्स पार्काचे घरनिर्माण मंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, आमदार श्री. रोहन खंवटे, आमदार आनी घरनिर्माण मंडळाचे अध्यक्ष श्री. सुभाष शिरोडकर हांच्या उपस्थितीत उक्तावण केले.

22 कोटी खर्च करून उबारिल्ल्या बाजार संकुलात दोन इमारती आसून पयल्या इमारतीत 73 दुकांना आनी 24 कार्यालयां आसात आनी दुयअऱ्या इमारतीत स्टिल्ट पार्किंग, दोन मजल्यासयत 21 कार्यालयां आसात.

राज्याची सर्वांगीण उदरगत आनी लोकांक बऱ्यो साधनसुविधां दिवपाखातीर सरकाराचे प्रयत्न आशिल्ल्याचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ह्या वेळार उलयताना सांगलें. समाजातल्या तळागाळातल्या लोकांमेरेन प्रशासन पावोवपाखातीर आपले सरकार कटीबद्ध आशिल्ल्याचेय तांणी म्हणले.

आत्मनिर्भर भारत आनी स्वयंपुर्ण गोंयचे उद्दिश्ट पुर्ण करपाखातीर लोकांनी सहकार्य करपाची मागणीय मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार केली.

घरनिर्माण मंत्री श्री. माविन गुदिन्हो हांणी प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी देशात विकासाच्या बाबतीत म्हत्वाची सुधारणा धडोवन हाडिल्ली आसून गोंयाकय ताचो फायदो जाल्लो आसा. गोंय सरकार राज्यांतल्या सुविधांनी सूधारणा करपाक कटीबद्द आसून लोकांनी साधनसुविधांचो योग्य फायदो करून घेवपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगले.

आमदार श्री. रोहन खंवटे हांणी बाजार प्रकल्प सुरू जाल्ले खातीर समाधान उक्तावन लोकांचे सपन पुर्ण जाल्ल्याचे म्हणले.

आमदार आनी घरनिर्माण मंडळाचे अध्यक्ष श्री. सुभाष शिरोडकर हांणी गोंय घरनिर्माण मंडळाच्या प्रकल्पांची म्हायती दितना गोंय हे सोबीत राज्य करपाखातीर प्रयत्न करपाची गरज उक्तायली.

उत्तर गोंय जिल्हा परिशदेचे अध्यक्ष श्री. कार्तिक कुडणेकर, पेन्ह द फ्रान्स पंचायतीचे सरपंच श्री स्वप्निल चोडणकर, पेन्ह द फ्रान्सच्यो जिल्हा पंचायत वांगडी श्रीमती कविता नाईक ह्या वेळार हाजिर आशिल्ल्यो.

घरनिर्माण मंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. निखिल देसाय हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. गोंविद भगत हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/697

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji